**फोग लावपाचेर निर्बंध**

ता. 13 सप्टेंबर 2023

सर्वोच्च न्यायालयान फोग लावपाक आनी जनावरांआड क्रूरतायेक प्रतिबंध करपाच्या एका याचिकेचेर दिल्ल्या आदेशानुसार सरकारान चवथ, दिवाळी ह्या सारख्या सणाच्या प्रसंगार रातची 8 ते 10 ह्या वेळेत फोगाचो वापर करपाक प्रतिबंध लागू केला. तशेंच नातला/ नवीन वर्साच्या प्रसंगार रातची 11.55 ते 12.30 वरांमेरेन फोग लावपाक प्रतिबंध आसतलो.

बेरियम सॉल्ट वापरिल्ल्या तशेंच एकटाय जोडिल्ल्या फोगाचेर बंदी आसा. खंयच्याय राज्यांतल्या वाठारांत बंदी आशिल्लो फोग विकपाक, तयार करपाक वा वापरपाक मेळचो ना. ह्या आदेशाचे उल्लंघन जाल्यार संबंदीत राज्यांतल्या पुलीस यंत्रणेक जबाबदार धरतले.

सध्या गणेश चतुर्थीचो सण लागी पाविल्लो आसून ह्या काळांत सर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेशाक पाळो दिवपाची गरज आसा. फोगाचो अकस्मात मोठो आवाज जाल्ल्यान पाळीव तशेंत हेर हेडगीं जनावरां भितात आनी आबूज जावन मेळत ते वटेन धाव मारतात. तशेंच जाण्ट्या आनी दुयेंत मनशांकय फोगाचो आवाज आनी वासान त्रास जाता. फोगाग लागून हवेतले प्रदुशणय वाडटा आनी ताचो मनशाच्या भलायकेचेर वायट परिणाम जाता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/722

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.